# सांगे मामलेदार कार्यालयावतीन आपत्ती वेवस्थापन जागृताय कार्यक्रम

**ता. 21 ऑक्टोबर 2022**

सांगेच्या उपजिल्हाधिकारी आनी मामलेदार कार्यालयान हालीच सांगे नगरपालिका सभाघरांत आपत्ती वेवस्थापनाविशीं युवकांमदी जागृताय करपाखातीर कार्यक्रमाचे आयोजन केल्ले. ह्या कार्यक्रमात नॅशनल डिजास्टर रिस्पॉन्स फोर्स (NDRF) च्या पंगडान वाटो घेवन कसल्याय आपत्तीच्या वेळार करपाच्या उपायांविशीं प्रात्यक्षिकां करून दाखयली. दुखापत जाल्ल्या, काळजाचो आतांक आयिल्ल्या आनी उदकात बुडिल्ल्या मनशाक वयर काडले उपरांत ताकतीकेन करपाच्या उपायांचीय प्रात्यक्षिका करून दाखयली. सुमार 100 NSS स्वयंसेवक आनी शिक्षक तशेंच साबार विभागांचे अधिकारी कार्यक्रमात सहभागी जाल्ले.

सुरवातीक सांगेचे मामलेदार श्री प्रविणजय पंडित हांणी पूर, भूयंकाप, उद्देगीक आनी हेर आपत्तीविशीं म्हायती दितना आपत्तीत सापडिल्ल्या मनसाचो जीव वाचोवपाखातीर लोकांनी उपाय जाणून घेवप म्हत्वाचे आशिल्ल्याचे सांगलें.

सांगेच्या मामलेदारान सांगे म्हालातल्या पंचायतींचे सरपंच आनी पंचाक आपत्तीच्या प्रसंगार आपत्ती वेवस्थापन पंगडाक मदत करपाखातीर आपल्या गांवानी युवा स्वयंसेवक, एनएसएस, एनसीसी कॅडेट्स आनी हेरांचो आस्पाव आशिल्ल्या ग्राम कार्य दळ गठीत करपाची विनंती केली.

सांगेच्यो जाड मामलेदार श्रीमती सीमा एस.एस.गुडेकर हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/656

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji